**<u>प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंयचो चित्ररथ</u>**

ता. 21 जानेवारी 2022

नवी दिल्लीत 26 जानेवारी 2022 दिसा प्रजासत्ताक दीस संचलनाच्या सांस्कृतीक मिरवणूकीत गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत करतले. गोंयच्या चित्ररथा वरवीं राज्याचो सांस्कृतीक वारसो, आग्वाद किल्लो, आझाद मैदानावयले हुतात्मा स्मारक, दोनापावला, इफ्फी, शिगमोत्सव आनी कुणबी लोकनाचाचे दर्शन घडयतले.

ह्या वर्सा संरक्षण मंत्रालयान गोंयासयत 12 राज्यां/संघप्रदेशांच्या चित्ररथांची निवड केल्या. तशेंच मंत्रालयां/खात्यांच्या 8 चित्ररथांची निवड केल्या. गोंयासयत अरूणाचल प्रदेश, हरयाणा, छत्तीसगड, गुजरात, जम्मू-काश्मीर, कर्नाटक, महाराष्ट्र, मेघालय, पंजाब, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड ही राज्यां आपले चित्ररथ संचलनात सादर करतलीं.

राज्य सरकारान गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत करपाखातीर वारखंडे फोंडेचे श्री. सुशांत खेडेकर हांच्या चित्ररथ आराखड्याची निवड करून नवी दिल्लीक संरक्षण मंत्रालयाक धाडिल्लो आनी मंत्रालयाच्या तज्ञ समितीन ह्या आराखड्याची निवड केल्ली आसा.

गोंयच्या चित्ररथाचे काम नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीरात चालू आसा. चित्ररथ तयार करपाचे काम 25 कुशळ कामगारांचो पंगड करता. ह्या पंगडात चित्रकार, सुतार, पेंटर, फॅब्रिकेटर आनी हेरांचो आसपाव आसा. राजपथार 23 जानेवारीक चित्ररथांची तालीम जातली. गोंयच्या चित्ररथावांगडा राज्याच्या वेगवेगळया वाठरांतले 18 लोककलाकांर सहभागी जातले.

नवी दिल्लीत प्रजासत्ताक संचलनाखातीर गोंयच्या चित्ररथाची अनेक वर्सां सावन निवड जाता आनी पुरस्कारय फावो जाल्ले आसा. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन दर वर्सा गोंयच्या चित्ररथाचे प्रदर्शन जाता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/66

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji